गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

जायरात क्रमांक . 09 वर्स 2026

11. 09. 2026 दिसा प्रकाशीत जाल्या

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25.09.2026 आसा.

फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांची अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 25.10.2026 आसा.

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाचे वॅबसायटीचेर उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

टीप:1) अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

ए) ऑनलायन

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळ्या उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

टिप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.

प्रतिनियुक्तिचेर बदली वरवीं

I. गृह खातें (सामान्य)

बंदखणी निरिक्षकालय (INSPECTORATE OF PRISONS)

वैजकी अधिकारी, (Medical Officer) प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं ..... 2 पदां (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी : वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-

आवश्यक :- भलायकी सेवा संचालनालय / गोंय वैजकी महाविद्यालया अंतर्गत अनुरूप पद धारण करपी अधिकारी

II.भौशीक भलायकी खातें

गोंय दंत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल (GOA DENTAL COLLEGE AND HOSPITAL)

सहाय्यक अभियंतो (विज), प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं .... 1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी : वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-

आवश्यक :- केंद्र / राज्य सरकारी कार्यालयांतले अधिकारी.

a. (i) नेमान अनुरूप पद धारण करपी अधिकारी

वा

(ii) रू. 5500-9000 (पूर्व सुदारीत) वा तत्सम वेतन श्रेणींत त्या पदाचेर तीन वर्सां नेमान सेवा आनी

b. थेट भरती जावप्यां खातीर थारायिल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आसूंक जाय, ते म्हणल्यार

(1) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान वा तत्सम विद्यापिठांतल्यान वीज अभियांत्रिकी पदवी.

(2) दंत यंत्रणा आनी उपकरणांची देखरेख आनी दुरुस्ती ह्या क्षेत्रांत तीन वर्सांचो वेवसायीक अणभव.

<u>गोंय वैजकी महाविद्यालय</u>

रेडिओ डायग्नोसीस विभागांत सहाय्यक प्राध्यापक, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं ..... 5 पदां (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी : वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय :-

आवश्यक: केंद्र/ राज्य सरकार/ केंद्रशासीत प्रदेश प्रशासना अंतर्गत समान पदार आशिल्ले अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो कालावधी तीन वर्सां परस चड आसूंक जायना)

<u>थेट भरती वरवीं</u>

<u>गोंय वैजकी महाविद्यालय</u>

सामान्य वैजकींतलो व्याख्यातो .... 5 पदां (2 पदां अनारक्षीत, 1 पद अनुसुचीत जाती , 1 पद अनुसुचीत जमाती , 1 पद हेर मागास वर्गिंया खातीर आरक्षीत)

वेतन श्रेणी : वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक : (i)भारतीय वैजकी मंडळ कायदो,1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय.(ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदलें भारतीय वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) आवश्यक पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्था आसा, तातूंत वरिश्ठ निवासी / निबंधक / अनुशिक्षक (Tutor)/ निदर्शक म्हूण संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सां शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.

<u>भलायकी सेवा संचालनालय</u>

आहारतज्ञ (Dietician) ..... 1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी : वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक : (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान गृह विज्ञानांत पदवी वा तत्सम (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक: - (i) आहारतज्ञांत डिप्लोमा आसूंक जाय. (ii) पोशणशास्त्रांत पदवी वा पदव्युत्तर डिप्लोमा. (iii)हॉस्पिटलांत आहारतज्ञ म्हूण अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

गृह खातें (सामान्य)

फॉरॅन्सीक विज्ञान संचालनालय

फॉरॅन्सीक विज्ञान प्रयोगशाळेंत विज्ञानीक सहाय्यक (Scientific Assistant in Forensic Science Laboratory in)

a. टॉक्सिकॉलोजी, (Toxicology), रसायनशास्त्र (Chemistry) आनी नार्कोटिक्स (Narcotics) ……. 1 पद (अनारक्षीत)

b.जीवशास्त्र (Biology) आनी सिरॉलॉजी (Serology) ……. 1 पद (अनारक्षीत)

वेतन श्रेणी : वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें **पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक : (i) सकयल दिल्ल्या तकट्यांत कॉलम (a) तल्या संबंदीत नोंदींत स्पश्ट केल्ल्या संबंदीत विशयांत विशेशज्ञताय घेवन सकयल्या तकटो (b) च्या अनुक्रमांक 1-2 च्या पदां खातीर मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणें द्वितीय श्रेणी आशिल्ली विज्ञानांत पदव्युत्तर पदवी.

अनु.क्र.	पद	विशेशताय
	(a)	(b)
	विज्ञानीक सहाय्यक	
1.	टॉक्सिकॉलोजी, (Toxicology) रसायनशास्त्र (Chemistry) आनी नार्कोटिक्स (Narcotics)	रसायनशास्त्र (Chemistry)/ फॉरॅन्सीक विज्ञान (Forensic Science)
2.	जीवशास्त्र (Biology) आनी सिरॉलॉजी (Serology)	प्राणीशास्त्र (Zoology)/ फॉरॅन्सीक विज्ञान (Forensic Science)/सुक्ष्मजीवशास्त्र (Microbiology)/ आनुवंशिकीशास्त्र (Genetics)/जैवतंत्रज्ञानशास्त्र (Biotechnology)

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक: - (i) संगणकाचें गिन्यान आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान आसूंक जाय.